आमचो भारत हिन्दुस्तान .... - देशभक्ति गीत

हो देश आमचो मान, तिरंगो आमचो शान
एकसुरेचो अखण्डतायेचो, आमचो भारत हिन्दुस्तान !!

या भुयेंच्या कणाकणातल्यान भुंय भांगर पिकयता
उद्योगाच्या वडल्या मळार ख्याती आपली वाढयता
शेतकर्यांचो आसचो आमका दर एकाक अभिमान
तना मनातल्यान गायता कवना आमचो देश महान
आमचो भारत हिन्दुस्तान !! 1 !!

अस्मिताय वळख आमची वेगळी आमची संस्कृताय
ईद चवथ फेस्तां दिवाळी आमचे सण हे आमका जाय
हर धर्माचो मनीस हांगा एकचारन तांका जगुंक जाय
मनीसपणाचो देश हो आमचो एकुच आमचो गान
आमचो भारत हिन्दुस्तान !! 2 !!



Cont... ✍ मधुर नायक

YourQuote.in

शहीद सैन्यांच्या रक्त-कणांचो माण्टले कशे हिशोब काय
दुसमानांचो नाष करुन बेधुस्त जाप तांका दिवुंक जाय
धास्ती जाती राष्ट्रवादाचे मुद्दे कशेय करुन सुटोंक जाय
अमन शांतीचो देश हो आमचो एकवट आमचो शान
आमचो भारत हिन्दुस्तान !! 3 !!

भारत देश हो प्रथम धर्म ..... आ ssss
घेवया आमी ताजो प्रण ..... आ ssss
देशभक्तिची ज्योत पेटोवया .... आ ssss
काळजान ताजी स्फूर्त उजळुया .... आ ssss
रीण फिटोवया ह्या भुयेंचे .... आ ssss
त्याविण आमकां सुख ना मेळचें .... आ ssss
ओपुन ही जीण करूया हाजे वर्चस्व महान
आमचो भारत हिन्दुस्तान !! 4 !!



वन्दे मातरम् ..... वन्दे मातरम् ..... वन्दे मातरम् .....!!!
- मधुर नायक, शेळवण कुडचडे, गोंय

YourQuote.in